राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो 02.07.2025 @ 7.20 pm

- **गोंय सरकारान यत्ता पयलीं ते धावी आनी यत्ता धावी उपरांतच्या विद्यार्थ्यां खातीर ऑनलायन मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टल सुरू केला**

- **विधवा पेन्शनाची रक्कम 4 हजार करपाची घोशणा समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी केली**

- **मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी आज पणजीत राज्यस्तरीय बँकर्सच्या दोन दिसाच्या परिषदेच्या उक्तावण केले**

- **राज्यातल्या दरेकी पंचायतीत उण्यात उणी एक तरी सहकारी सोसायटी आसतली. अशी म्हायती सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिली.**

- **आदिवासी कल्याण संचालनालयान फाल्या सांग्यार धरती आबा जनभागीदारी अभियान ही एक भव्य कार्यावळ घडोवन हाडल्या**

रश्मि 150

गोंय सरकारान यत्ता पयलीं ते धावी आनी यत्ता धावी उपरांतच्या विद्यार्थ्यां खातीर ऑनलायन मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टल सुरू केला. ह्या उपक्रमाक लागून सुमार 50 हजार पात्र विद्यार्थ्यां खातीर शिश्यवृत्ती अर्ज सोंपें आनी पारदर्शक जातले अशी अपेक्षा आसा अशे मुखेलमंत्र्यान ही येवजण लॉंच केल्या उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत म्हणले.ह्या पोर्टलाचेर गोंय समाज कल्याण खाते,आदिवासी कल्याण खाते, तशेंच राज्य आनी केंद्र सरकाराच्या वेगवगेळ्या शिश्यावृत्तीचे अर्ज पात्र

विद्यार्थ्यांक सहज उपलब्ध जातले. जाल्यार अर्जाचेर 15 दिस ते 1 म्हयन्याभितर प्रक्रिया जावन शिश्यावृत्तीचो लाव विद्यार्थ्यांक मेळटलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.byte

विधवा पेन्शनाची रक्कम 4 हजार करपाची घोशणा समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी केली.21 वर्सां सकयल उण्यांत उणें एक भुरगें आशिल्ल्या गोंयांतल्या विधवा बायलांक आतां गृह आधार (₹1,500) आनी विधवा पेन्शन (₹2,500) दोनूय वट्ट म्हयन्याक ₹4,000 आदार मेळूंक शकता. अर्जदारांनी भुरग्याचें जल्म दाखलो पुरावो म्हणून सादर करचो पडटलो. ह्या एकत्रीत मजतीचो लाव पयलींच 2 हजारां वयर बायलांक मेळटा, जाल्यार गोंयांत सध्या 36 हजार विधवा बायला ह्या येवजणेचो लाव घेतात अशी म्हायती तांणी दिली byte

DIP 150

लोकांक उदरनिर्वाहाची फावो ती साधनां आनी टिकावू संद मेळोवन दिवप आनी तांचे मदीं स्वरोजगार आनी उद्देजकतेक प्रोत्साहन दिवप हो गोंय राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह अभियान GSRLM चो हेत आसा अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी आज पणजीत राज्यस्तरीय बँकर्सच्या दोन दिसाच्या परिषदेच्या उक्तावण समारंभात बँकांचे भागधारक आणि स्वयंसहायता गटांच्या सदस्यांक संबोधित करताना सांगले. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या स्वयंसहायता गट सदस्यांची उपजीविका आणि आर्थिक कल्याण वाडोवपाक स्वयंसहायता गटांच्या सहभागींक फाव ते ज्ञान आणि कुशलताय प्रदान करप हो परिशदेचो हेत आसा. राज्याक आत्मनिर्भर करपाक आनी गरिबी उणी करपाक बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें मुख्यमंत्र्यांन सांगलें. राज्यांत सुमार 3250 स्वयंसहायता गट कार्यरत आसात. बायलां उद्देजकतेक चालना दिवपा खातीर तांकां ३४० कोटी रुपयांचे रीण वेगवेगळ्या बँकां वरवीं मेळता. हाका लागून बायला उद्देजकतेक प्रोत्साहन मेळटलें आनी ते करपाक GSRLM भागधारकांची भुमिका म्हत्वाची आसा. बेकर्सांनीय ह्या यत्नांत तितलोच

आदार केला अशें मुख्यमंत्र्यान मुखार सांगलें.गांवगिऱ्या वाठारांनी उदरनिर्वाहा खातीर येवजण्यो चालीक लावून गोंय सरकारान फुडल्या काय वर्सांत  राज्यांत उण्यांत उणीं 11 हजार 'लखपती दीदी' आसपाची मोख दवरल्या अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गणेश  140

राज्यातल्या दरेकी पंचायतीत उण्यात उणी एक तरी सहकारी सोसायटी आसतली. सहकार सोसायटी बगर एकूय पंचायत आसची ना, अशी मोख गोंय सरकारान दवरल्या. पोरण्या सहकारी सोसायट्यांक भोउद्देशी सोसायट्यांचो दर्जो दितले, अशी म्हायती सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिली. केंद्रीय सहकारमंत्री अमित शाह हांचे फुडारपणाखाला दिल्लीत सहकार वर्सा निमतान मंथन बसका जाली. हे बसकेक 25 राज्यांचे सहकारमंत्री हाजीर आशिल्ले. गोंयचो सहकार मंत्री हे नात्यान बसकेक हांव हाजीर आशिल्लो, अशें मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी पर्वरी मंत्रालयात घेतिल्ले पत्रकार परिशदेत सांगलें.

देशातली सहकार चळवळ घटमुट जावन ताचो सामान्य मनशाक कसो लाव जातलो, हाचेर बसकेत चर्चा जाली. सगळ्या राज्यातली सहकार चळवळ आनी पद्दत केंद्रीय सहकार मंत्र्यांनी जाणून घेतली. गोंयचो विचार केलो जाल्यार दोन बियाण्यांच्यो बँको स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसा. तशेच सहकारी सोसायटीमार्फत सेंद्रीय शेतीक उर्बा दिवपाची मोहीम सहकार खात्यामार्फत सुरू जातली. तशेच 6 जुलयाक फोंडा हांगा सहकार स्थापना दिसा निमतान कार्यावळ जातली, अशी म्हायती सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.

DIP 130

केंद्रीय नव्या आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक हालींच कोलवाळेच्या डायेगो वाज उच्च माध्यमीक शाळेच्या गुणवंत विद्यार्थ्यांच्या अभिनंदन सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण आशीले. नुस्तेमारी, पशुपालन आनी पशुवैजकी सेवा आनी कारखानो आनी बॉयलर मंत्री नीलकण्ठ हलरणकार हे खाशेले मानाचे सोयरे, जाल्यार शाळा वेवस्थापन समितीचे अध्यक्ष विष्णुपत कुलकर्णी, पालक-शिक्षक संघाचे अध्यक्ष जयेश बोंद्रे, पीटीएचे कोषाध्यक्ष शिवानंद नायक, शिक्षक एस. त्रिशाला गडेकर आनी विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले. 2024-2025 शिक्षणीक वर्सा कला, वाणिज्य आनी विज्ञान फाट्यात पयलें, दुसरें आनी तिसरें स्थान मेळयल्ल्या इकराव्या आनी बाराव्या वर्गांतल्या गुणवंत विद्यार्थ्यांक तशेंच वैयक्तीक विशयांत चड गूण मेळोवपी विद्यार्थ्यांक प्रमाणपत्रां, शिश्यवृत्ती आनी यादस्तीक दिवन भोवमानित केले. ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी विद्यार्थ्यांची तोखणाय करून तांकां परबीं दिवन शिक्षणीक जिणेंत शिस्त तिगोवन दवरपाचो सल्लो दिलो आनी तांकां पर्जळीत फुडार मेळचो अशी शुभेचा दिली. मुखेल सोयऱ्यान MPLAD येवजणे खाला संगणक, प्रोजेक्टर आनी जेरोक्स मशीन शाळेक भेटयली

DIP 120

आदिवासी कल्याण संचालनालयान फाल्या सकाळीं 10.00 वरांचेर सांगेच्या नगरपालिका सभाघरांत धरती आबा जनभागीदारी अभियान ही एक भव्य कार्यावळ घडोवन हाडल्या. भारत सरकाराचे केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळ देसाय, गोंय विधानसभेचे अध्यक्ष रमेश तवडकर ह्या कार्यक्रमाक हाजीर आसतले. राज्य आनी केंद्र सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यां खाला मानेस्त लाबार्थ्यांक वेगवेगळे लाभांचे वाटप करतले. धरती आबा जनभागीदारी अभियानाचो एक भाग म्हूण आयोजीत

केल्ल्या भलायकी तपासणी, कान्सर सोद शिबिर आनी दंत भलायकी तपासणी शिबिरांचो लाव घेवपाचो सल्लो भौसाक दिला. वेगवेगळ्या सरकारी येवजण्यांचो फायदो घेवपाक भौसाक सेवा दिवपा खातीर वेगवेगळ्या सरकारी खात्यां कडल्यान स्टॉल उबातले आनी अर्ज स्टॉलांचेर उपलब्ध आसतले. आदिवासी वेव्हार मंत्रालय, नवी दिल्लीन हालींच धरती आबा जनजाती ग्राम-उत्कर्ष अभियान ही नवी येवजण सुरू केल्या

DIP 70

खेळ आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान 23 ते 26 जुलय मेरेन हरियाणाच्या कुरुक्षेत्रांत जावपी आंतरराज्य युवा देवाणघेवाण कार्यावळींत वांटो घेवपाक तरणाट्यां खातीर निवड चांचणी घडोवन हाडल्या.गट लोक नाच, गट लोकगीत आनी भाशण हांचे खातीर निवड चांचणी 10 जुलय क मीनेजीस ब्रागांझा इन्स्टिट्यूट, पणजी हांगा जातली. 15 ते 29 वर्सां पिरायेचे तरणाटे हे निवड चांचणे खातीर पात्र आसात. अर्ज फॉर्मा वांगडा पात्रतायेच्यो नेम आनी अटी अधिकृत संकेतथळा चेर उपलब्ध आसात. अर्ज धाडपाची निमाणी तारीक 9 जुलय आसा.

DIP 70

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान 2025 वर्सा खातीर दिव्याग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात.ह्या पुरस्कारा खातीर ऑनलायन नामांकनां आनी अर्ज स्वीकारपा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टल www.awards.gov.in सुरू केलां. दिव्याग व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर उत्कृश्ट वावर केल्ल्या व्यक्तींचो आनी संघटनांचो भोवमान करपा खातीर दर वर्सा 3 डिसेंबराक दिव्याग व्यक्तीं आंतरराष्ट्रीय दिसा राष्ट्रीय पुरस्कार भेटयतले. ह्या राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर सोपी आणि तर्कशुध्द मार्गदर्शक तत्वां खात्याच्या संकेतथळार निमाणी तारीक 15 जुलय आसा

डेस्क 140

कला अकादमीन वर्सुकी परंपरेन घडोवन हाडिल्ल्या सर्गेस्त मनोहरबुवा शिरगांवकार यादस्तीक विभागीय बायला कलाकारांचे पयल्या केंद्रार घेतिल्ल्या भजन सर्तीचो निकाल घोशीत जाला. आश्विनी जांबावलीकार,प्रताप कालेकार आनी विशांत सुर्लकार हाणी परीक्षक आशीले. निकाल असो आसा

७,००० रुपयांचे पयलें इनाम अष्टविनायक महिला संस्कृति मंडळ, वळवय फोंडा
5,000 रुपयांचे दुसरें इनाम श्री केलबाई सतेरी महिला भजनी मंडळ, कुरटी -फोंडा
3,000 रुपयांचे तिसरें इनाम श्री मयुरेश्वर महिला भजनी मंडळ, सुकतळे,, सवाईवेरे-फोंडा

दरेकीं 2,000/- रुपयाची तीन उरबा वाडोवपी इनामां युवती भजनी मंडळ, अडकोण, बाणस्तारी-फोडा,श्री सतेरी प्रसादिक संगीत संस्था, बेतोडा-फोंडा, आनी श्री साईनाथ महिला भजनी मंडळ, भोमा-फोडा

वैयक्तीक इनामां:- अभंग उत्कृष्ट गायक कलाकार पयले मिनल कामत अष्टविनायक बायलां सांस्कृतीक संस्था, वळवई-फोंडा, दुसरे अमीशा अशोक चिरी श्री केलबाई सतेरी महिला भजनी मंडळ, कुरटी -फोडा

उत्कृष्ट गवळण मिलन शिरी सतरकर युवती भजनी मंडळ, अडकोण, बाणस्तारी-फोंडा आणि उत्कृष्ट पखवाजसाथी हेमलता वामन सतरकर युवती भजनी मंडळ, अडकोण, बाणस्तारी-फोडा हांका फाव जाली

स्पोर्ट्स 30

उत्तराखंडांतल्या हरिद्वारांत जाल्ले पयल्या राष्ट्रीय युवा कबड्डी सर्तींत 18 वर्सां सकयल्या चलयांच्या गोयच्या गटान फायनलींत पावपाचो खर यत्न केलो पूण निमाणें हरियाणाचो बळिश्ट पंगडान हार घाल्यान तांकां कांस्य पदकचेर समाधान मानचें पडलें.

IMD 55

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **28.** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **25.2** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला